*गोंय सरकार*

*म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें*

*पणजी गोंय*

*<u>सरकारी पत्रक</u>*

-

**<u>मुख्यमंत्र्याकडल्यान गोंयच्या लोकांक नव्या वर्साची परबीं</u>**

ता. 31 डिसेंबर 2019

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी गोंयच्या लोकांक नव्या वर्साची परबीं भेटयल्या. मुख्यमंत्री आपल्या संदेशात म्हणटा, " संवसारभरातले लोक व्हडा उत्साहान आनी उमेदीन नवें वर्स मनयतात. नवें वर्स लोकांच्या जीणेत नवें हावेस आनी अपेक्षा घेवन येता. नवें वर्स प्रत्येकाच्या जीणेत नव्यो संदी घेवन येता आनी त्यो पुर्ण करपा खातीर नव्यान सुरवात करता. नव्या वर्साच्या शुभ प्रसंगार हांव गोंयच्या लोकांकडेन मागता की तांणी राज्याच्या सामाजीक आनी आर्थिक उदरगती खातीर नेटान आनी निर्धारान प्रयत्न करचे.

नवें वर्स प्रत्येकाच्या जीणेत खुशालकाय, शांतीकाय आनी भरभराट घेवन येव आनी गोंयच्या उदरगतीक प्रत्येकाकडल्यान योगदान मेळू," अशें मुख्यमंत्री म्हणटा.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2019/818

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA